# महोत्सवांतल्यो सावार सर्ती

## फकत शिक्षणीक संस्थां खातीर आशिल्ल्यो सर्ती

(7020873370)

### △ नमन (मिरवणूक)

- युवा महोत्सवांत वांटेकार पंगडांची लोकजागृताये खातीर मिरवणूक.
- विशय: गोंयचें समाज दर्शन.
- घोशणा आनी फलक हांचो आसपाव गरजेचो.
- पंगडांत उण्यांत उणें 10 आनी चडांत चड 60 सर्तक आसचे पडटले.
- सर्ती दिसा सकाळीं 9.15 मेरेन नोंदणी केल्ल्या पंगडांकूच सर्तींत वांटो घेवपाक मेळटलो. सर्त सारकी 9.45 वरांर सुरू जातली. 9.30 मेरेन पंगडाचे नमन सर्तींत वांटो घेवपी सगले जाण सर्तीचे सुवातीर हजर आसल्यारच पंगडाक नमन सर्तींत वांटेकार जावपाक मेळटलें.
- सर्तीचे परिक्षक मिरवणुकेच्या मार्गार वेगवेगळे सुवातेर आसतले.
- सर्तीचें परिक्षण पारंपारीकताय आनी पारंपारीक सामग्री, वाजप आनी नाच, भेस, शिस्त आनी पंगडांतलो जोश ह्या निकशांचेर जातलें.
- मिरवणूकींत चित्ररथ वापरूंक मनाय आसतली.

### △ लोकमांड (गोंयचे पारंपारीक लोकनाच)

- वेळ: 5-7 मिनटां.
- 6 मिनटांनी शिटकावणी घांट, 7 मिनटांनी मायक बंद.
- सर्तींत उण्यांत उणे 8 आनी चडांत चड 25 जाणांनी वांटो घेवंक जाय.
- नाच गोंयचोच लोकनाच आसूंक जाय.
- नाचाक गरजेचीं पारंपारीक वाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतली.
- पदांची कॅसेट वापरूंक मेळची ना.
- सर्तीचें परिक्षण भेस, वाद्य, पदन्यास, पारंपारीकताय आनी परिणाम ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.
- खेरीत दादल्यांचे वा खेरीत बायलांचे लोक प्रकार कोणाकूय (दादल्यांक वा बायलांक) सादर करूंक मेळटले.

### ○ खेळ (रस्तो नाट्य)

- वेळ: 8-10 मिनटां.
- सर्तींत उणेच 5 आनी चडांत चड 25 जाण वांटेकार जावं येतात.
- सर्ती खातीर मायकाची वेवस्था आसची ना.
- गरजेचीं तालवाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतली.
- खेळ उक्त्या आंगणांत जातलो.
- सर्तीचें परिक्षण विशयाची मांडणी, नाट्य, अभिनय, समन्वय आनी परिणाम ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.
- विशय-
  1. मनशाची आस, सैमाचो नाश
  2. जनमत कौल
  3. Happiness Index (विकास: भौतीक संसाधनांचो कांय मानवी संसाधनांचो)
  4. स्वताच्या पांयार काय सरकाराच्या नाड्यार?

### ○ नाच नाच नाचुया

- वेळ: 4 ते 5 मिनटां. चार मिनटांचेर शिटकावणी घांट. 5 मिनटांचेर ट्रॅक बंद.
- कोंकणींतल्या एकाच गिताचेर नाच.
- उणेच 6 जाण आनी चडांत चड 12 जाण वांटेकार जावं येतात.
- नव निर्मीत ना जाल्यार उपलब्द आशिल्ली रिकोर्डेड सीडी वापरपाची.
- प्रकट गीत म्हणूंक वा वाद्यां वापरूंक मेळचीं नात.
- सर्तीचें परिक्षण नृत्य सादरीकरण, समन्वय, मुस्तायकी, पदन्यास आनी सर्जनशीलताय ह्या निकशांचेर जातलें.

### △ धीक थै (गोंयच्या पारंपारीक वाद्यांची जुगलबंदी)

- वेळ: 4 ते 7 मिनटां
- गोंयची पारंपारीक वाद्यां वापरूंक मेळटलीं.
- उणेच 3 जाण आनी चडांत चड 8 सर्तकांक वांटेकार जावं येता.
- सर्तीचें परिक्षण ताल, लय, वाद्यांचो सुमेळ, सर्जनशीलताय आनी सादरीकरण ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

### ○ गीत गायतना

- गीत/कांतार एकट्यान गावपाचें.
- वाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतली.
- गीत/कांतार कोंकणीच आसूंक जाय.
- दर एका सर्तकाक 5 मिनटां मेळटली.
- दर एके संस्थेचो एक सर्तक आसतलो.
- सर्ती खातीर 20 जानेवारीक दनपारच्या 1.30 वरांचेर सर्तीच्या सुवातीर चांचणी फेरी जातली. ही चांचणी फेरी सक्तीची आसतली.
- सर्तकान तीन गितां/कांतारां तयार करून येवप गरजेचें. एकूच गीत चड सर्तकांनी निवडिल्लें आसल्यार परिक्षकान सांगिल्लें दुसरें गीत म्हणचें पडटलें.
- चांचणी फेरयेंत वेंचिल्ल्या 12 सर्तकांची वळेरी चांचणेच्या उपरांत जाहीर जातली. तांकांच ते दिसा मुखेल सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलें.
- सर्तीचें परिक्षण सूर, ताल, लय, गिताची/कांताराची निवड, परिणाम ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.

## फकत पंगडां खातीर आशिल्ल्यो सर्ती

(9923442746)

### △ नमन (मिरवणूक)

- युवा महोत्सवांत वांटेकार पंगडांची लोकजागृताये खातीर मिरवणूक.
- विशय: गोंयचें समाज दर्शन.
- घोशणा आनी फलक हांचो आसपाव गरजेचो.
- पंगडांत उण्यांत उणे 10 आनी चडांत चड 60 सर्तक आसचे पडटले.
- सर्ती दिसा सकाळीं 9.15 मेरेन नोंदणी केल्ल्या पंगडांकूच सर्तींत वांटो घेवपाक मेळटलो. सर्त सारकी 9.45 वरांर सुरू जातली. 9.30 मेरेन पंगडाचे नमन सर्तींत वांटो घेवपी सगले जाण सर्तीचे सुवातीर हजर आसल्यारच पंगडाक नमन सर्तींत वांटेकार जावपाक मेळटलें.
- सर्तीचे परिक्षक मिरवणुकेच्या मार्गार वेगवेगळे सुवातेर आसतले.
- सर्तीचें परिक्षण पारंपारीकताय आनी पारंपारीक सामग्री, वाजप आनी नाच, भेस, शिस्त आनी पंगडांतलो जोश ह्या निकशांचेर जातलें.
- मिरवणूकींत चित्ररथ वापरूंक मनाय आसतली.

### ○ आयलें तशें गायलें

- वेळ: 5 मिनटां
- तियात्रांनी जशें ट्रियो पध्दतीचीं पारंपारीक गायनां आसतात तशें आसूंक जाय.
- हातूंत 3 गायक कलाकार आसप गरजेचें.
- सर्तीचें परिक्षण विशयाची निवड, सूर, ताल, अभिनय आनी सामुहीक आविश्कार ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.
- वाद्यां वापरूंक मेकळीक आसतलीं.
- सर्ती खातीर 20 जानेवारीक सकाळीं 11.30 वरांचेर चांचणी फेरी आसतली. ही फेरी सक्तीची आसतली. चांचणी फेरयेंत वेंचिल्ल्या सर्तकांची वळेरी जाहीर जातली. तांकांच मुखेल सर्तींत वांटो घेवंक मेळटलें.
- चांचणेत गायिल्लें गीत आनी वांटेकार जाल्ले सर्तक मुखेल सर्तींत बदलूंक मेळचे नात.
- सर्तीचें परिक्षण सादरीकरण, समन्वय, मुस्तायकी, पदन्यास आनी सर्जनशीलताय ह्या निकशांचेर जातलें.

### △ रंगमाची

- सर्तकांक खंयचीय एक पुर्व-प्रकाशीत कोंकणी कथा आपल्या कल्पकतायेन नाट्य रुपांत सादर करची पडटली. कथा पयलीं पुस्तकांत, अंकांत छापून आयिल्ली आसपाक जाय आनी नाटकाच्या सुरवातेक कथेचे आनी कथाकाराचे नांव सर्तक पंगडान जाहीर करपाक जाय.
- उण्यांत उणे 5 आनी चडांत चड 10 सर्तकांक माचयेर वावरूंक मेळटलें.
- वेळ: 7 - 12 मिनटां (सॅट लावपाक घेतिल्लो वेळ ह्या वेळ मर्यादेंत आसपावता)
- वस्ती (प्रोपर्टी), मुस्तायकी वापरपाक मेळटली.
- सर्तीचें परिक्षण कल्पकताय, समन्वय, अभिनय, कथानकाचें सादरीकरण आनी सुसुत्रताय ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.
- कसलेंय संगीत वापरूंक मेकळीक आसतली. मात ते खातीर वेगळो कॉर्ड वा मायक मेळचो ना.
- छापील कथेची झेरोक्स आनी नाटकाची संहिता सर्त सुरू जावचे पयली संयोजका कडेंन दिवची पडटली. कथा आनी संहिता दिली ना जाल्यार सर्तींत वांटेकार जावंक मेळचें ना.

### ○ फास्की (वण्टीपत्रक)

- वेळ - 4 वरां.
- उण्यांत उणे 3 आनी चडांत चड 5 सर्तक वांटेकार जावं येतात.
- फकत कॅन्वास (24"x36") आयोजक दितले. हेर साहित्य सर्तकांक हाडचें पडटलें.
- फकत रंगांच्या आदारान चित्रांच्या माध्यमांतल्यान तुमकां जाय तो विशय कॅन्वासाचेर मांडचो पडटलो. कॅनवासाचेर उतरांनी संदेश आसपाक जायना.
- सर्तीचें परिक्षण रंग, रेशा, पोत (texture), संकल्पना आनी जाग्याचो वापर ह्या निकशांचेर आदारून जातलें.
- कॅन्वासाचेर कसलींच चित्रां चिकटावपाक मेळचीं नात.
- सर्ती खातीर तयार केल्ल्यो ह्यो फास्क्यो उपरांत आयोजक पावणेर काडटले.

### ○ नाच नाच नाचुया

- वेळ: 4 ते 5 मिनटां. चार मिनटांचेर शिटकावणी घांट. 5 मिनटांचेर ट्रॅक बंद.
- कोंकणींतल्या एकाच गिताचेर नाच.
- उणेच 6 जाण आनी चडांत चड 12 जाण वांटेकार जावं येतात.
- नव निर्मीत ना जाल्यार उपलब्द आशिल्ली रिकोर्डेड सीडी वापरपाची.
- प्रकट गीत म्हणूंक वा वाद्या वापरूंक मेळचीं नात.
- सर्तीचें परिक्षण नृत्य सादरीकरण, समन्वय, मुस्तायकी, पदन्यास आनी सर्जनशीलताय ह्या निकशांचेर जातलें.

### △ कवन काळजांतलें (कवितेचें सादरीकरण)

- वेळ 4 ते 10 मिनटां. (सॅट लावपाक घेतिल्लो वेळ ह्या वेळ मर्यादेंत आसपावता)
- दिल्ल्या कविता संग्रहांतल्या खंयचेय एके कवितेचें सादरीकरण.
- सादरीकरण नाच, नाट्य, मुकनाट्य, चित्रकला वा हेर खंयचेय पद्दतीन करपाक मेळटलें.
- कविता रिकोर्ड करून सादर करूंक मेळची ना. मात सांगाताक रिकोर्ड केल्लें संगीत वा वाद्यांचो वापर करूंक मेळटलो. कवितेचें प्रकट सादरीकरण आसचें पडटलें.
- माचयेर चडांत चड 10 वा उण्यांत उणे 3 जाणांक वावुरपाक मेळटलें.
- दिल्ले कवितेंत कसलोच फेरफार करपाक मेळचो ना.
- गरजेचें साहित्य वा प्रॉपर्टी सर्तकांक हाडची पडटली.
- सर्तीचें परिक्षण कवितेचें सादरीकरण, समन्वय, सर्जनशिलताय, कविता आनी सादरीकरणाचो मेळ, परिणाम हांचेर जातलें.
- सर्ती खातीरचो कविता संग्रह: पासवर्ड (कवी: नूतन साखरदांडे)

## शिक्षणीक संस्था आनी पंगडां खातीर सर्ती
(9823994734)

### ○ प्रस्नमाची

- दर एके संस्थेचो/पंगडाचो दोग जाणांचो गट आसतलो.
- गोंया संबंदीत समाजीक, शिक्षणीक, संस्कृतीक, अर्थीक अश्या विशयांचेर प्रस्न आसतले.
- गोंयच्या आंतरराज्यीय आनी आंतरराष्ट्रीय संबंदांचेर प्रस्न आसपाक शकतात.
- सर्तीचे दिसा लेखी परिक्षा आसतली.

### △ मुस्तायकी (देशी पारंपारीक भेस)

- दर एके संस्थे वतीन/पंगडा वतीन एक देशी पारंपारीक भेसांतलें जोडपें (दादलो आनी बायल) सर्तींत वांटो घेतलें.
- सर्ती आदीं चांचणी फेरी घेवन तातूंतल्यान चडांत चड 20 पंगड फुडले फेरये खातीर वेंचून काडटले.
- पयल्या फेरयेंत जोडप्यांक स्वताची वळख दिवपाक अर्द मिनीट मेळटलें. ही वळख आपणे भेस केल्ल्या पात्रांक अनुसरून आसची. आनी उखाणे वापरिनासतना स्वताची वळख स्वताच करची.
- दुसरे फेरयेंत पावपी 6 जोडप्यांक एकामेकांक प्रस्न विचारचो पडटलो. प्रस्न बुद्दीक चालना दिवपी आसचो पडटलो. प्रस्न चडांत चड तीन वाक्यांत आसचो पडटलो. (प्रस्न सारको नासल्यार परिक्षकांक प्रस्न विचारपाचो अधिकार आसतलो). विचारिल्ल्या एकाच प्रस्नाक जोडप्यांतल्या दोगूय जाणांक जाप दिवची पडटली. कोण कोणाक प्रस्न विचारतलो हें चिटयो काडून थारायतले. जापे वांगडाच प्रस्नाकूय गूण आसतले.
- निमण्या फेरयेंत तीन जोडप्यांक आपल्याक जाय त्या विशयाचेर दोन मिनटां उलोवपाची संद मेळटली. समाजकारण, संस्कृताय, कला, खेळ हे सारक्या ताका जाय त्या हेर खंयच्याय विशयाचेर ताणें उलोवंक येता. ते उपरांत परिक्षकांक गरज दिसल्यार ते जोडयेंतल्या कोणाकय आपल्याक जाय ते प्रस्न विचारतले.
- सर्तीचें पयले फेरयेचें परिक्षण करतना पारंपारीकता, भेस, सादरीकरण ह्यो गजाली मतींत धरतले. मागीरचे सगले फेरयेंत चातूर्य आनी वैचारीक प्रकटणाचेर परीक्षण जातलें.

## म्हत्वाच्यो सुचोवण्यो आनी नेम:

**युवा महोत्सवाची लोकप्रियताय आनी गोंय भरच्या तरणाट्यांचो मेळपी उत्स्फुर्त तेंको दिसान दीस वाडत आसा. वाडपी आटाप मतींत धरून आमी सुचोवंक सोदतात.**

- सर्तक पंगडांनी / शिक्षणीक संस्थांनी युवा महोत्सवांत वांटो घेवपा संबंदीच्यो आपल्यो प्रवेशिका 15 जानेवारी 2018 दिसा रातच्या 12 मेरेंन धाडूंक जाय. 16 जानेवारी, रातचे 12 मेरेन प्रवेशिका धाडपी सर्तकांचे 5 गूण कमी जातले आनी 17 जानेवारी, रातचे 12 मेरेन प्रवेशिका धाडपी सर्तकांचे 10 गूण कमी जातले.
- प्रवेशिकेंत खंयच्या सर्तींनी वांटो घेतले तें कळोवपाक जाय.
- पंगडांक तशेंच शिक्षणीक संस्था खातीर राबितो आसचो ना.
- △ ही कुरू आशिल्ल्या भांगरा सर्तीक पयले, दुसरे आनी तिसरे क्रमांकाक दर एकी 20, 15 आनी 10 गूण मेळटले.
- ○ ही कुरू आशिल्ल्या रुप्या सर्तीक पयले, दुसरे आनी तिसरे क्रमांकाक दर एकी 15, 10 आनी 5 गूण मेळटले.
- अश्या वट्ट गुणांच्या आदारान उत्कृश्ट पंगडाची निवड करतले.
- एके कॉलेज/संस्थेन उण्याच धा जाणांचो सर्तक पंगड धाडूंक जाय. तेच प्रमाण उण्याच पांच सर्तींनी वांटो घेवंक जाय.
- शिक्षणीक संस्थां भितर विद्यार्थी सोडून हेरांक प्रत्यक्ष वांटेकार जावंक मेळचें ना. गरज पडल्यार आयोजकांक विद्यार्थ्यांचें वळख पत्र मागपाचो अधिकार आसतलो.
- नेमांत फावो ते बदल करपाचो अधिकार आयोजकांनी राखून दवरला.
- परिक्षकांचो निर्णय निमणो आसतलो.
- परिक्षकांच्या खंयच्याय निर्णयाचेर जर सर्तकांनी गरजे भायर आक्षेप घेतलो जाल्यार तो सर्तक पंगड युवा महोत्सवांतल्या हेर सर्तींत वांटेकार जावपाक अपात्र थारतलो.
- खंयच्याय सर्ती खातीर सर्तक चड आसल्यार चांचणी फेरी घेवपाची मेकळीक आयोजकांक आसतली.
- महोत्सवाच्या माटवांत वा माचयेर जनावरांचो वापर करूंक मेळचो ना.
- खंयच्याच सादरीकरणांत पोजडेपणां वा वैयक्तीक टिकेक सुवात आसची ना.
- राजकी उमेदवार वा राजकीय पक्षाचो प्रचार महोत्सवाच्या माटवांत वा माचयेर करपाक मेळचो ना.
- दर एका सर्तक पंगडाक एक धोल आनी दोन ताशे वापरपाक मेळटले. ताचे परस चड धोल आनी ताशे माटवांत भितर व्हरूंक मेळचे नात.
- प्रत्येक सर्तकान वेळेचें बंदन पाळुंकूच जाय. दर एके सर्तीची वेळ सोंपचे एक मिनीट आदीं शिटकावणेची घांट आनी वेळ सोंपतकूच मायक बंद जातले.
- पंगडांतल्या वांटेकारांनी पिरायेचीं 35 वर्सां हुपिल्लीं आसचीं न्हय. तशेंच वांटेकार सर्तकांची पिराय 15 वर्सां परस उणी आसची न्हय. गरज पडल्यार आयोजकांक वयाचो दाखलो मागपाचो अधिकार आसतलो.
- दर एक सर्तीचो निकाल जाहीर जाले उपरांत अर्द वरा भितर जैतिवंत सर्तक पंगडान आपल्या सर्तकांची नांवां येवकार कक्षांत हाडून दिवंक जाय. अर्द वरा भितर नांवां मेळ्ळी नात जाल्यार त्या जैतिवंत पंगडाक प्रशस्तीपत्रकां मेळचीं नात.
- सर्तींत वांटेकार जावपी शिक्षणीक संस्थांक आनी पंगडांक आयोजक येरादारी खर्च दिवचे नात.
- सर्तींत उक्तायल्लीं मतां ही सर्तकांची मतां आसतली, आयोजक तांच्या मतां कडेन सहमत आसतलेच अशें ना.
- सर्तीचे नेम मोडिल्ले बद्दल कसलोय आक्षेप आसत जाल्यार सर्त सोपले उपरांत 15 मिन्टां भितर लिखीत स्वरुपांत आपली कागाळ फावो त्या पुराव्या सकट नोंदणी कक्षांत दिवची पडटली. आयोजक ते संबद्दान तुमचें कडेंन चर्चा करून फावो ती जाप तुमकां दितले. निकाल जाहीर जाले उपरांत कसल्याच प्रकारची कागाळ आयोजक मानून घेवचे नात. दर एका सर्तीचो निकाल स्वता परिक्षक जाहीर करतात. ते खातीर सर्तीचे गुणपत्रक खंयच्याच पंगडाक आयोजक दाखोवचे नात. परिक्षकांचो आदर राखप हें सर्तक आनी आयोजक म्हणून आमचें कर्तव्य अशें आमी मानतात.

## वट्ट इनामां

- सर्वोत्कृश्ट शिक्षणीक संस्था/पंगड - पयलें इनाम (वट्ट गुणांचेर आदारून) रोख रू. 25000/- + यादस्तीक + घोळटो करंड + प्रशस्तीपत्रक
- सर्वोत्कृश्ट शिक्षणीक संस्था/पंगड - दुसरें इनाम (वट्ट गुणांचेर आदारून) रोख रू. 20000/- + यादस्तीक + प्रशस्तीपत्रक
- पयल्या दोन जैतिवंतांत शिक्षणीक संस्था नासल्यार शिक्षणीक संस्थेक गुणांचेर आदारून खेरीत रोख इनाम 15000/- + यादस्तीक + प्रशस्तीपत्रक दितले.
- दर एके सर्ती खातीर
  पयलें इनाम रोख रू. 2000/- + प्रशस्तीपत्रक
  दुसरें इनाम रोख रू. 1500/- + प्रशस्तीपत्रक
  तिसरें इनाम रोख रू. 1000/- + प्रशस्तीपत्रक

**पयलो दीस**

**नमन (पंगड) 9.30 ते 10.30   उक्तावण 10.30 ते 11.30**

| मुखेल माची | माची दोन | दालन | चौक |
|---|---|---|---|
| कवन काळजांतलें 11.30-2.00 | नाच नाच नाचूया (शि.सं) 11.30 - 1.30 | फास्की 11.30- 1.30 | प्रस्नमाची (चांचणी) 11.30- 12.30 |
| प्रस्नमाची 2.00-3.30 | नाच नाच नाचूया (पंगड) 1.30 - 3.30 | ट्रियो (चांचणी) 11.30-1.00 | |
| आयले तशें गायलें 3.30- 5.00 | गीत गायतना 3.30-5.00 | गीत गायतना (चांचणी) 1.00-2.30 | खेळ (रस्तो नाट्य) 1.00-3.00 |

**दूसरो दीस**

**नमन (शि.सं) 9.30 ते 10.30**

| वेळ | मुखेल माची | माची दोन | माची तीन |
|---|---|---|---|
| 10.30-1.00 | लोकमांड | रंगमाची | धीक थै |
| 1.00-2.00 | पावणी | 9.00 ते 12.00 | 9.00 ते 12.00 |
| 2.00-3.30 | मुलाखत | | |
| 3.30-5.00 | मुस्तायकी | | |

**समारोप: 5.00 ते 6.00**


## कार्यालय

**कोंकणी भाशा मंडळ,**
विद्यानगर, मडगांव, गोंय
**अध्यक्ष:** चेतन आचार्य- 9422389290/8830103768
**सरचिटणीस:** नित्यानंद नायक - 9822486075
**कार्याध्यक्ष:** समरेश वांयगणकार - 9823994734
**वॅबसायट:** www.konkanibhashamandal.com
**ईमेल:** konkanibhashamandal.goa@gmail.com, gym@konkanibhashamandal.com


# 23 वो गोवा युवा महोत्सव

**20 आनी 21 जानेवारी 2018**

कोंकणी भाशा मंडळ
स्थापना १९६२

आयोजक
**कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय**
जोडपालव
**श्री निराकार शिक्षण संस्था**

**थळ:** निराकार मैदान, दापट, काणकोण, माशें,